# गोवा कोंकणी अकादेमी

**पणजी– गोंय**

**येवजणेचें नांव : पयलो चंवर**

**( लेखकाच्या पयल्या कोंकणी पुस्तकाक 75% अर्थीक पालव )**

**अर्जीपत्र ( 2023-2024 )**

1. लेखकाचें नांव आनी पत्तो : ----------------------------
----------------------------
----------------------------

2. हातबरपाचें नांव :----------------------------

3. साहित्य प्रकार : ----------------------------

4. पत्र वेव्हाराचो पत्तो आनी फोन नं. : ----------------------------
----------------------------
----------------------------

* हांवें हे येवजणेची नेमावळ वाचल्या आनी ती म्हाका मान्य आसा.

* हें म्हजें स्वताचें साहित्य आसा आनी आजून मेरेन म्हजें खंयचेय भाशेंत एकूय पुस्तक उजवाडाक येवंक ना.

तारीख : ------------ ---------------

अर्जदाराची सय

( अर्जीपत्र पावपाची निमणी तारीख :- 5 - 10 - 2023 )

* अर्जीपत्रा सांगाताक जोडल्यात.

1) हातबरपाच्यो टायपसेट केल्ल्यो तीन प्रती

2) खात्रीपत्र

✓ ----------------------------------------------------

------ कार्यालयाखातीर ----------

## गोवा कोंकणी अकादेमी

### पणजी- गोंय

### येवजणेचें नांव : पयलो चंवर

( लेखकाच्या पयल्या कोंकणी पुस्तकाक 75% अर्थीक पालव )

* येवजणेचे वर्स : 2023-2024
* येवजणेचो उद्देश : लेखकाचें पयलें पुस्तक उजवाडाक हाडपाक उत्तेजन दिवप.

**येवजणेचे नेम :**

1. ज्या लेखकाचें खंयचेच भाशेंत एक लेगीत पुस्तक आजून मेरेन उजवाडाक येवंक ना, अशा लेखकाखातीर ही येवजण लागू जाता.
2. ही येवजण देवनागरी आनी रोमी लिपींतल्या कोंकणी बरोवप्यांखातीर आसा. अर्ज स्वता बरोवप्यान करचो पडटलो.
3. हे येवजणेखाला कथा, कविता, कादंबरी, निबंद, समिक्षा, नाटक, आत्मचरीत्र अशा सर्जनशील ललीत साहित्य प्रकारांचोच विचार जातलो.
4. कवितेचें पुस्तक कमीत कमी 75 पानां आनी कथा, कांदबरी, निबंद, समिक्षा आत्मचरीत्र हांचें कमीत कमी 100 पानां छापील पुस्तक जातलें, अशें तरेन हातबरप आसपाची गरज आसा.
5. अकादेमीन नेमिल्ली निवड समिती हातबरप तपासून आनी लेखनाचो दर्जो पळोवन पुस्तक छापपाखातीर योग्य अशा हातबरपांची शिफारस करतली.
6. हे येवजणेखाला निवड जाल्ल्या पुस्तकाच्यो 500 प्रती छापपाखातीर अकादेमी 75% अर्थीक पालव दितली. हातुंतल्यो 50 प्रती अकादेमीक दिवच्यो पडटल्यो.
7. हे येवजणेखाला अकादेमीकडेन सादर केल्लें हातबरप टायपसेट केल्लेंच आसूंक जाय. हातान बरयिल्लें हातबरप तशेंच छापील कात्रणां अकादेमी स्विकारची ना. तशेंच अर्जा वांगडा हातबरपाच्यो टायपसेट केल्ल्यो तीन प्रती सादर करपाक जाय.

8. निवड समितीन सुचयल्ले प्रमाण हातबरपांत फाव ते बदल करप लेखकाचेर बंधनकारक आसतलें.

9. मंजूर जाल्ल्या हातबरपाच्या छापणावळीसंबंदान सगळे अर्थीक वेव्हार अकादेमी लेखकाकडेनूच करतली. वेगळ्या प्रकाशकाकडल्यान छापपाचें आसल्यार ते संबंदानचो वेव्हार प्रकाशकाकडेन लेखकाक स्वता करचो पडटलो.

10. मंजूर जाल्लें हातबरप छापून उजवाडावपाखातीर अकादेमीचे शुद्धलेखनाचे नेम पाळचे पडटले. तशेंच अंतीम छापणावळ करचे आदीं मुखचित्रासयत तार्चे डमी प्रूफ अकादेमीक दाखोवचें पडटलें. अकादेमीची मान्यताय घेवन अंतीम छापणावळ करची पडटली.

11. गोवा कोंकणी अकादेमीकडल्यान ज्या पुस्तकाक अर्थीक पालव मान्य जाला, त्या पुस्तकाखातीर खंयचेय संस्थेकडल्यान वा व्यक्तीकडल्यान अर्थीक आदार घेवपाक ताका मेकळीक आसचीना.

12. अर्थीक पालव मान्य जाल्ल्या तारखेसावन तीन म्हयन्याभितर पुस्तक छापून येवचें पडटलें, नाजाल्यार मंजूर जाल्लो अर्थीक पालव रद्द जातलो.

13 खंयचेय प्रक्रिये वेळार, अकादेमीच्या खंयच्याय नेमाचो अर्जदाराकडसून भंग जाला अशे अकादेमीचे नदरेक आयलें जाल्यार मान्य जाल्लो अर्थीक पालव आडावन दवरपाचो, रद्द करपाचो वा दिल्ल्या अनुदानाची व्याजासयत वसुली करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता

14. वयलो खंयचोय नेम बदलपाचो वा रद्द करपाचो अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

****************

श्री/श्रीमती ----------
---------------
---------------

ता. -----------

भौ. सचिव,
गोवा कोंकणी अकादेमी,
पणजी- गोंय.

**खात्रीपत्र**

हांव श्री./ श्रीमती--------------------------------रावपी--------- ----------------- ----------------ह्या पत्रावर्वी स्पश्ट करता की गोवा कोंकणी अकादेमीच्या -----------------------------------येवजणेखाला हांवें अकादेमीक सादर केल्लें म्हजें ------------------------------- हें हातबरप म्हजें स्वताचें आसा म्हणपाची हांव खात्री दिता.

बरें मागून,

तुमची,

____________________